# मुख्यमंत्र्याहस्तूकी अन्न प्रक्रिया तंत्रज्ञान परिशदेचे उक्तावण

ता. 21 सप्टेंबर 2017
30 भाद्रपद 1939

अन्न प्रक्रिया तंत्रज्ञानाचो वापर करून आंबो, पणस, निरपणस आनी हेर बागायत उत्पादनाचेर प्रक्रिया करप शक्य आशिल्ल्याचे मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी सांगले.

मुख्यमंत्री आयज हांगा अन्न प्रक्रिया तंत्रज्ञान उद्देगावयल्या दोन दीसाच्या परिशदेच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताले. गोंय राज्य उद्देग संघटनेन संरक्षण संशोधन विकास संघटना आनी उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खात्याच्या सहकार्यान हया परिशदेचे आयोजन केला.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, आपरोजगार सुरू करपाक सोदतल्यान सरकारच्या वेगवेगळया येवजणांचो लाव घेवचो. देशाच्या वेगवेगळया वाठारात सीमारेशेचेर तैनात आशिल्ल्या जवानांक थंयच्या परिस्थितीत सेवा करतना तांका पौश्टीक अन्नाची गरज लागता आनी अशें पौश्टीक अन्न उपलब्ध करपाखातीर संरक्षण संशोधन विकास संघटना म्हत्वाचे काम करता, अशेंय तांणी सांगले.

संरक्षण संशोधन विकास संघटनेचे सरसंचालक डॉ. गुरूप्रसाद हांणी लष्कर दळांक अन्न पुरवण करपाखातीर संरक्षण संशोधन विकास संघटना काम करता अशें सांगून अन्न जिन्नसांचो दर्जो आनी सुरक्षा राखपाखातीर अन्न प्रक्रिया तंत्रज्ञानाचो योग्य वापर करप जाता म्हणपाचे सांगले.

संरक्षण अन्न संशोधन प्रयोगशाळा संचालक डॉ. जी.के.शर्मा हांणी देशाच्या सीमोरेशेचेर कठीण हवामानात सेवा करपी जवानांक ताजे आनी पौश्टीक अन्न पुरवण करून जवानांची भलायकी मजबूत दवरपाखातीर प्रयत्न जातात, अशें सांगले.

हयावेळार मुख्यमंत्र्यांहस्तूकीं तंत्रज्ञान बदली कार्यक्रमाचे लाव घेतलेलेल गोवा पेंटस्चे श्री. अनिरूध्द धेंपे, ईपी ग्रुपचे श्री. राजकुमार कामत आनी केनेकोचे श्री. शेखर सरदेसाय हांचो सत्कार केलो.

गोंय राज्य उद्देग संघटनेचे अध्यक्ष श्री. राजकुमार कामत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी श्री. सूरज मंत्रवादी हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.